# प्रादेशिक  खबरो

Date :10/03/2026 7.20 pm

मुखेल खबरो

- गृह आधार आनी दयानंद समाजीक सुरक्षा येवजणे खाला नव्यान नोंदणीकृत लावार्थ्यां सयत पुराय गोंयांतल्या 2.24 लाखां वयर लावार्थ्यांच्या खात्यात आयज ₹45.26 कोटी थेट जमा केल्यात अशी म्हायती  मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी दिली

- केरळ ,कर्नाटका राज्याच्या human wild life conflict managment policy चो अभ्यास करून गोयांत अशा पद्धतीचे धोरण चालीक लावपाच्या दीखेन राना खाते विचार करतले अशे राना मंत्री विश्वजीत राणे हाणी म्हणला

- गोंय फकत दर्यदेग पर्यटनापुरतेच मर्यादित ना. इको - टुरीझम हो गोंय पर्यटनातलो एक महत्वाचो पैलु अशे पर्यटन मत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला

- गोयेंचो नामनेचो जांबावलेचो श्री रामनाथ दामोदर देवस्थानाचो गुलालाचो उत्सव आयज व्हड उमेदीन आणि भक्ती भावान मनयलो .

आता पुराय खाब्रो

CM 100

गृह आधार आनी दयानंद समाजीक सुरक्षा येवजणे खाला नव्यान नोंदणीकृत लावार्थ्यां सयत पुराय गोंयांतल्या 2.24 लाखां वयर लावार्थ्यांच्या खात्यात आयज ₹45.26 कोटी थेट जमा केल्यात अशी म्हायती  मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी दिली. आतां सावन दोनूय येवजण्यां खाला दिल्ल्या मजतीचें पयशे दर म्हयन्याच्या 10 तारखे मेरेन कसलोच कळाव करिनासतना दितले, जाका लागून लावार्थ्यांक चड पारदर्शकता आनी सोयी मेळटली अशें मुखेलमंत्र्यान सांगलें.

ह्यावेळार बायलां आनी भुरगीं उदरगत आनी भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे आनी समाज कल्याण मंत्री श्री सुभाष फळ देसाय हाजीर आशील्ले. ह्या येवजण्यांनी कुटुंबां, बायलां, ज्येश्ठ नागरिक, विधवा आनी हेर दुबळ्या वर्गां खातीर समाजीक सुरक्षा घटमूट करपाचें काम चालूच आसा अशें  मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

रश्मी १७५

गांवगिऱ्या वाठारांनी खेती, माकड, गवे रेडे, तशेच  हेर रानटी  जनावरा शेतकी पिकावळीचे, तशेच घराच्या आशी कुशीक आशिलल्या वाठारात रोयिल्लया फळ झाडांचे लुकासाण करतात. रानटी जनावरांक रानान खावपाक अन्न नाशिल्या करणान ती लोकवस्तीत येवपाक लागल्यात. सराकार हो प्रसन कशा पध्तीन सुटावो करतलो काय असो प्रस्न दिवचलचे आमदार दो. चंद्रकांत शेट्ये हांणी आयज विधानसभेत प्रस्नोतराच्या वेळार राना मंत्री विश्वजीत राणे हांका केल्लो. जाल्यार

विरोधी पक्ष फुडारी हांणी केरळ तशेंच कर्नाटका राज्यान ज्या प्रमाण रानटी जनावरांचो उपद्रव थाबोवपपाखातीर खासा धोरण आखला ,तशाच धोरण गोंय सराकरान लेगीत आखचे शी सुचोवणी केल्ली.

केरळ तशेंच कर्नाटका राज्यान जे प्रमाण रानटी जनावरांचो उपद्रव थांबोवपाक, तशेंच पिकावळीचे लुकसाण आडोवपाखातीर धोरण तयार केला, त्या धोरणाचो अभ्यास करुन गोंयात तशा पध्दतीचे धोरण चालीक लावंक मेळटले कांय ना ताचो अभ्यास करता अशे आस्वासन रान मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिला. रान खात्यावतीन राना वाठारात ५-६ लाख फळांच्या झाडांची लागवड, तशेच उदकाचे स्त्रोत तयार केल्यात अशीय म्हायती ह्यावेळार विश्वजीत राणे हांणी दिली.

Eco tourism च्या नावान येवपी प्रकल्प इको टुरीझम धोरणाचे नेम पाळटात का इको टुरीझम प्रकल्प म्हण दाखोवन हेर तऱ्हेचे प्रकल्प हाडटात काय हाची तापसाणी सराकरान करची . तशेचं अशे प्रकल्प गावगिऱ्या वाठारात न्ही आनी गावगिऱ्या वाठारात लोकांची वस्ती आसा थंय येवचे न्ही,ह्या प्रकल्पावरवी जावपी कोयर, रानटी जनावारांचे राबील्ताची सुवात आडोवन, तशेंच हे विंशी हेर प्रस्न सुटाव करपाच्या नदरेतल्यान पर्यटन खात्यान काम करचे अशी मागणी कुडतरीचे आमदार आलेक्स रेजिनाल्ड लोरेंन्स हांणी केला. सरकारान इको- टुरीझम धोरणावरवी खंयच्या सुवाती विचारात घेतल्यात काय असो प्रस्न तांणी केल्लो. ह्या प्रस्नाक जाप दितना Eco tourism धोऱण चालीक लावप ही गोंयच्या पर्यटनाची गरज अशे मत पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी उक्तायला. गोंय फकत दर्यदेग पर्यटनापुरतेच मर्यादित ना. इको - टुरीझम हो गोंय पर्यटनातलो एक महत्वाचो पैलु अशे पर्यटन मत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला. जाल्यार होम स्टे वरवी गोंयच्य गावगिऱ्या वाठारातल्या २०० बायलांक रोजगार मेळ्ळा अशी म्हायीत ताणी दिल्या. ह्यावेळार विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी गोंयात येवपी पर्यटकांचो, पर्यटकाकं घेवन येवपी येरादारी यंत्रणेचो ,तशेंच वेवसायिकाचो डेटा पर्यटन खात्यान तयार करचो, पर्यटनाच्या सुवातींनी कोयर वेवस्थापन वेवस्थित करपाखातीर खासा नोडल एजंन्सी नेमची, तशेंच पर्यावरण संवेदशील वाठारांविंशी पर्यवरण खात्याच्या जोडपालवान अभ्यास करचो. हे सगळे केल्या उपरांत इको टुरीझम धोरणाचो विचार आनी ती कशा पधद्तीन चालीक लावपाचो ताचो विचार जावचो अशी सुचोवणी केली.

१६५सुशांत
पुराय गोयंत फामाद आशिल्लो जांबावली हांगाचो श्री रामनाथ दामोदर देवस्थानाचो गुलालाचो उत्सव आज मोठ्या उमेदीन आणि भक्ती भावान मनयलो . हो उत्सव मनोवंक हजारांनी भाविक आज जांबावले हाजिर जाल्ले.

गोंयांत शिगमो महोत्सवाची एक चैतन्यदाई गजाल म्हळ्यार जांबावली हांगा जावपी पारंपारीक गुलालोत्सव. ह्या महोत्सवांत भक्ती, संस्कृताय आनी रंग हांचो मेळ घालून दर वर्सा हजारांनी भक्त देवाच्या पाया लागी येवन देवाक नमन करतात. श्री दामोदर देवळांत जावपी हो उत्सव ह्या वाठारांतल्या शिगमो उत्सवात एक कळस कसो थारता.

आयज सकाळी देवळाच्या पारंपारीक विधी आनी दामोदर देवाक अर्पण केल्ल्या प्रार्थनेन हो उत्सव सुरू जालों. दनपार मेरेन लोकांनी देवाचे पालखेर गुलाल ओपिल्ल्यान आणि एकमेकांक गुलाल लावन आपली खोस उक्तायल्ल्यान देवळाचें आंगण गुलाबी रंगाच्या दर्यांत रुपांतरीत जाल्ले. ह्या वेळार भाविकांनी श्री रामनाथ दामोदर की जय असो जयघोष करून सगळो प्राकार दणदणावन सोडलो.

रंगीत उत्सवा उपरांत जायते भक्त लागसारचे कुशवती न्हंयांत विधीपुर्वक न्हाण घेतना दिष्टी पडताली. आज रात्री जावपी नवरदेवाची वरात जावन हो शिगमो सोपतलो.

श्रद्धा आनी परंपरेची परब म्हण या उत्सवाकडेन भाविक पळयतात. ते खातीर गोंयभरांतल्यान हजारांनी भक्त आनी भोंवडेकार या उत्सवाक जमतात.

महेश 100

भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या पणजी प्रादेशिक कार्यालयान, काल डिजिटल पेमेंट्स जागृताय सप्तक 2026 घडोवन हाडलें. ह्या वेळार आप मजत गटां खातीर अर्थीक साक्षरता वाडोवप आनी डिजिटल रितीन फारीकणी स्वीकारपा विशीं म्हायती दिवपा खाशेलें सत्रय घडोवन हाडलें. गोंयच्या फोंडेच्या उसगांव ग्राम पंचायतींत आयोजीत केल्ली ही कार्यावळ डिजिटल वेव्हाराक चालना दिवपा खातीर आनी समाजांतल्या सगळ्या वर्गांत जागृताय निर्माण करपा खातीर चालू आशिल्ल्या ‘दर एक फारीकणी डिजिटल’ मोहिमेक अनुरूप आसा. राज्यभर ग्रामीण अर्थीक उदरगत आनी अर्थीक समावेश वाडोवपाक आप मजत गटांचें म्हत्वाचें योगदान वळखून भारतीय रिझर्व्ह बँकेन आंतरराष्ट्रीय बायलांचो दीस ह्या कार्यावळीन मनयलो. ह्या कार्यक्रमांत गांवांतल्या शंबरां वयर आपमदत गटांच्या प्रतिनिधींनी वांटो घेतलो.

Dip ११५

गोंय राज्य सरकाराच्या समाज कल्याण संचालनालयान 25 वर्सां वा चड काळ अनुसूचीत जातीच्या कल्याणाखातीर काम करपी व्यक्तिकडल्यान डॉ. आंबेडकर सामाजिक पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात. 14 एप्रिल 2026 दिसा डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर जयंती दिसा रोख 25,000/- रूपया, शाल, श्रीफळ आनी प्रशस्तीपत्र स्वरूपात पुरस्कार भेटयतले.अनुसूचीत जातीतल्या घटकांचो सामाजिक, आर्थिक, शिक्षणीक आनी सामान्य जीणेचो दर्जो सुदारपा खातीर काम करपी व्यक्तिंक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या येवजणेचो उद्देश आसा. ह्या पुरस्काराखातीर 60 वर्सां पिरायेवयली गोंयकार व्यक्ती अनुसूचीत जातीच्या कल्याणाखातीर फाटली 25 वर्सां काम करपी आसपाक जाय . इत्सूक व्यक्तिंनी अर्ज आनी चड म्हायती खातीर समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून मार्ग, पणजी गोंय (फोन नं. 2223784, 2232257) हांगा कामाच्या वेळेंत संपर्क करचो. पूर्ण भरिल्ले अर्ज आवश्यक दाखल्यांसयत स्वीकारपाची निमाणी तारीख 25 मार्च 2026 आसा.

जाण 100

केंद्र सरकार प्रधानमंत्री विद्यालक्ष्मी येवजणे वरवीं उच्च दर्ज्याच्या उच्च शिक्षण संस्थांनी प्रवेश घेतिल्ल्या विद्यार्थ्यांक अर्थीक मजत फावो करता. ह्या पी एम विद्यालक्ष्मी येवजणे खाला कसलेंच तारण वा हमी दी नासताना शिक्षणीक रीण मेळपाची तजवीज आसा. ८ लाखां मेरेन वर्सुकी कुटुंब उत्पन्न आशिल्ले विद्यार्थ्यां १० लाखां मेरेनचे रिण फकत ३ टक्के कळंतर दरान मेळोवपाक पात्र थारतले.

पीएम-विद्यालक्ष्मी येवजण शिक्षणीक रिणांचो लाव घेवपा खातीर विद्यार्थी ऑन लायन अर्ज करूंक शकतात. येवजणे खातीर https://pmvidyalaxmi.co.in ह्या संकेतथळाक ऑनलायन अर्ज सादर करूं येतात.

सगळ्या सरकारी आनी अनुदानीत माध्यमिक तशेंच उच्च माध्यमिक शाळांच्या मुखेल्यांनी पीएम-विद्यालक्ष्मी येवजणेंची म्हायती विद्यार्थ्यांक दिवंची अशें राज्य शिक्षण संचालनालयान कळीत केलां.

हवामान ४०

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान३१.१ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २५.१औंश सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३2.6 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २४.८ औंश सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले

क्रिकेट सर्त- 42

गोंय विद्यापिठान घाडोवन हाडील्या आंतर महाविद्यालयीन क्रिकेट सर्तींत पिलारच्या फादर अग्नेल महाविद्यालयाच्या पंगडांन जैत मेळयली. तांणी गोवा फिजियोथेरपी महाविद्यालयाक 96 धांवड्यांनी जैत मेळयली. दुसरे मॅचींत असगांवच्या आग्नेल इन्स्टिट्यूटान एसआरआयईटी शिरोडा या पंगडाक 68 धांवड्यांनी हारयलो. हे खेळ ताळगावच्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर घडोवन हाडले.